आकाशवाणी पणजेच्या
प्रादेशिक खबरा

**Date : 25/02/2026** **7:20 PM**

आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयुर्वेद गोंयच्या अखिल भारतीय संस्था कॅम्पसांत नव्या भलायकी सुविधांचें उक्तावण जालें, राज्यांत दुयेंती केंद्रीत आयुर्वेदिक सेवा घटमूट करपाचें हे म्हत्वाचें पावल आसा.

हे कार्यावळींत उलयतना गोंयचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी भलायकी सेवा आनी संशोधन सुदारपाच्या हेतान कॅन्सर संशोधन केंद्र, केंद्रीय संशोधन प्रयोगशाळा, फार्मसी सुविधा आनी हेर मुळावी बांदावळ हांचो आस्पाव करपा खातीर संस्थेच्या कॅम्पसाचो विस्तार करपाची येवजण जाहीर केली.

देशभरांत आयुर्वेदाची मुळावी बांदावळ घटमूट करपा खातीर आनी पारंपारीक भलायकी वेवस्थेचो वापर वाडोवपा खातीर आयुष मंत्रालय नेमान वावुरता अशे आयुशाचे केंद्रीय राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव हांणी सांगलें,

केंद्रीय वीज प्राधिकरणान आयोजीत केल्ल्या लायनमन दिसाक हाजीर रावून देशभरांत पुराय पणान वीज पुरवण सुनिश्चीत करपी समर्पीत लायनमनांक केंद्रीय मंत्री श्रीपद नाईक हाणी काळजा सावन परबी दिली. भारताचे प्रगतीक बळगें दिवपाक ह्या फ्रंटलायन नायकांची म्हत्वाची भुमिका आसा. मानादीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणा खाला वीज क्षेत्र आधुनीक तंत्रगिन्यान आनी वाडयल्ल्या सुरक्षेच्या मानकांकडेन मुखार वता आनी आमच्या #ViksitBharat2047 ह्या मिशनाक घटमूट करता अशे केंद्रीय मंत्री श्रीपद नाईक हाणी म्हणला.

दरेका मतदारसंघांत 100 कोटी रुपयाचे प्रकल्प बांदपाची येवजण केल्यार सगल्या मतदारसंघांत मुळावी बांदावळ वाडटली आनी लोकांक ताचो फायदो जातलो. सरकारी खात्यांत कंत्राटी पद्तीन काम करपी लोकांक धा वर्सां कायम करपाचो निर्णय घेतल्यार हजारांनी कंत्राटी कामगारांक फायदो जातलो. 'म्हाजो फ्लॅट्' येवजणेक लागून जायत्या जाणांक घरां मेळटलीं अशें भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांणी सांगलें.

मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी लोकप्रधान आनी उदरगतीचेर आदारिल्लो 2026-27साचो वित्तीय वर्सुकी अर्थसंकल्प शुक्रारा विधानसभा सभाघरांत सादर केलो. समाजाच्या दरेका वर्गा खातीर अर्थसंकल्पांत अर्थीक तजवीज केल्ल्यान गोयकारांक ताचो फायदो जातलो असो विस्वास तांणी उक्तायला.

उत्तर गोंयचें सांस्कृतीक आनी पारंपारीक दायज सांबाळून दवरपी पालये गांवांत होळयेच्या सव्या राती पारंपारीक 'रोमाट' उत्सव व्हडा उमेदीन मनयलो. श्री भूमिका वेताळ देवळाच्या वाठारांत जाल्ल्या ह्या महोत्सवांत भाविकांक पारंपारीक ढोल-ताशांचो गजर, जायत्या तरेचे चित्ररथ आनी उज्याचे खेळ पळोवपाक मेळे.

शिगमो उत्सवाच्या निमतान तयार केल्ल्ले चित्ररथ पळोवपाक भोंवतणच्या गांवांतल्या पर्यटकांचीय गर्दी पळोवपाक मेळी. दर वर्सा भशेन ओनू लेगीत पालयेच्या लोकांनी आपल्या लोकसंस्कृतायेचें दायज तिगोवन दवरून ह्या उत्सवांत व्हड प्रमाणांत वांटो घेतलो. पौराणीक आनी सामाजीक संदेश दिवपी थळाव्या कलाकारांनी सादर केल्ली वेशभूषा ह्या महोत्सवाचें एक आकर्शण थारली.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावर्वी आयकतात.

गोंयांत रावपी कन्नड लोकांचो वर्सुकी सांस्कृतीक मेळावो दिवचलेंत मनयतात. दिवचलेंत आयज श्री शांतादुर्गा देवळा वयल्यान सुरू जाल्ल्या आनी कर्मभूमि कन्नड संघान आयोजीत केल्ल्या महाकुंभ मेळयाक डॉ.प्रमोद सावंत हाजीर आशिल्ले. चंद्रशेखर शिवाचार्य स्वामी आनी हनुमंतप्पा रेड्डी हांच्या हाजिरेंत तांणी दीसभर चलपी कार्यावळीक यश मेळचें अशीं आस्त उक्तायली.

जागतीक बांयला दीसाच्या फांटभुयेर परबी भेटयतना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारान 40 वर्सा पिरायेवयल्या बायलांखातीर खासा भलायकी चाचाणी करपाची शिबीर आयोजित केला अशी म्हायती दिल्या. ह्या शिबिरावरवी सरकारी मुळाव्या भलायकी केंद्रानी, गोंय वैद्यकीय म्हाविद्यालय उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल हांगा हे शिबिर म्हयनोभर चलतले. बायलांनी व्यस्त जीवनात लेगीत स्वतची भलायकेची कुयदात घेवप गरजेचे आसा, ताका लागुन पुराय कुडीची फुकट चांचणीचो लाव गोंयच्या बायला नागरीकांनी घेवचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. हे शिवाय व्हीजन, मणिपाल,अपोलो सारक्या खासगी हॉस्पिटलांनी १२००- १५०० रुपया इतक्या उण्या फी सकट अशे शिबिर चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

सवी ते आठवी मेरेनच्या वर्गांखातीर वर्सांतले उणेंच धा दीस विद्यार्थ्यांक वर्गात 'दप्तर हाडप ना' दीस आसतले अशें गोवा एस. सी. आर. टी न सांगलां. एप्रिल २०२६ सावन नवें शिक्षणीक वर्स सुरू जाता आनी ह्या नव्या वर्सासावन ही घोशणा लागू जातली अशें तांणी सांगलां. राष्ट्रीय शैक्षणिक धोरणा प्रमाण वर्साच्या पयल्या अर्धान ५ दीस आनी दुसऱ्या अर्धान ५ दीस अश्या दिसांनी फिल्ड ट्रीप , अनुभवात्मक शिक्षण तशेंच सर्जनशील शिक्षणा सारख्या कार्यावळीं खातीर हे दीस खर्च करचे अशे निर्देश आसात.

गोंय विभागातल्या टपाल तक्रारी १२ मार्च मेरेन पणजेतल्या पोस्ट मास्टर जनरल कार्यालयांत सादर करच्यो अशे टपाल विभागांन मांगलां. १८ मार्चाक जावपी ६५ व्या डाक अदालतीत ह्या प्रस्नाचेर वा हरकतींचेर न्याय निवाडो जातलो अशेय ह्या कार्यालयान कळींत केलां. ह्या डाक अदालतींत गोय राज्यासयत सांगली , कोल्हापूर , रत्नागिरी आनी सिंधुदुर्ग या महाराष्ट्रातल्या पाच जिल्ह्यांनी आशिल्ल्या टपाल विभागांचो समावेश आसा. संबंधीत टपाल अधिकाऱ्यांकडेन कागाळ दाखल करतकच स म्हयन्यांभितर ज्या कागळीचे निराकरण जावंक ना अश्यो कागाळी डाक अदालती मुखार सुनावणेंक येवंक पात्र थारतल्यो. डाक अदालतींत सादर जावपी सगळयो कागाळी सगळया तपशिला सयत धाडच्यो अशें ह्या संबंधींच्या खबरेंत म्हळां.

गोंय सरकाराच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान आनी
युव हॉस्टेल असोसिएशन ऑफ इंडियाच्या सहकार्यान आयोजीत
केल्ल्या राष्ट्रीय हिमालयन ट्रेकिंग मोहिमेक आनी प्रशिक्षण
कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर गोंयच्या ट्रेकर्स आनी साहसी
लोकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात . हि मोहीम 17 ते 24 मे 2026
मजगत हिमाचल प्रदेशांतल्या कुल्लू जिल्ह्यांतल्या रोली खोलीत
जातली . इत्सूक उमेदवारांनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार
संचालनालयाच्या अधिकृत संकेतथळा वयल्यान थारायिल्लो अर्ज
डावनलोड करून येता वेवस्थीत भरलेले अर्ज, गरजेचे कागदपत्रां सयत 9 मार्च 2026 दिसा वा ताचे आदीं डीएसवाय कार्यालयांत सादर करचे.

आर्लेम क्रिकेट मैदानाचेर चालू आशिल्ले सरसांगण प्रायोरिटी सुपर सिरीज क्रिकेट सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा प्रॉग्रेसिव्ह फोंडा आनी प्रायोरिटी टायटन्स ह्या पंगडांनी आपली आपली मॅच जिखली. प्रॉग्रेसिव्ह फोंडान एफपीए मॅक्सव्होल्ट इलेव्हनाक 38 धांवड्यांनी आनी प्रायोरिटी टायटन्सान एमएलटी क्रिकेट क्लबाक 8 धांवड्यांनी हारायले.

फाल्या गोयांत  चडात चड तापमान 33-34 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 23-24 औंश सेल्सिअस आसपाचो अंदाज पणजी वेधशाळेन उक्तायला.